आकाशवाणी पणजी

केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा

**07.04.2025 7.20 pm**

**1** गोंय पर्यटन खाते आनी गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळ वरवी जावपी कामाचो बुनयादी फातर आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी घालो

2 भोमा सावन पोरणें गोंय मेरेनच्या **7** किलो मिटर लांबयेच्या रस्त्या खातीर केंद्रान **1060.21** कोटी रुपयां मंजूर केल्यात.

3 अस्नोडा बायपास प्रकल्पाच्या बांदकामाचो नियाळ आयज मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी प्रत्यक्ष पळोवणी करून घेतलो.

4 यत्ता ६, ७, ८, ९, १० आनी १२ च्या वर्गा खातीर नव्या शिक्षणीक वर्साची आयज अधिकृतपणान सुरवात जाली.

------------

गोंय पर्यटन खाते आनी गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळ वरवी थीयेच्या श्री महागणपती देवळा लागसार तळ्या भोंवतणी आनी भोंवतणच्या वाठार सोबीतीकरण करपाच्या कामाचो बुनयादी फातर आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी घालो.गोय पर्यटन खाते आनी गोय पर्यटन उदरगत म्हामंडळावतीन हे काम करतले अशी म्हायती हयावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दील्या. हया प्रकल्पांत पार्किंग वाठार, मंडप, हुवार आयल्यार उदक वचपाक वाट, तळ्याचे देगेचो रस्तो तयार करप, देवळाच्या वाठात रोशणाय हया कामाचो आस्पाव आसा. 240 दिसां भितर काम पुराय जावपाचें आसा अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या. हया कार्यावळीक मंत्री निळकंठ हळर्णकार,राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, सरपंच दीक्षा कांदोळकार तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

भोमा सावन पोरणें गोंय मेरेनच्या 7 किलो मिटर लांबयेच्या रस्त्या खातीर केंद्रान 1060.21 कोटी रुपयां मंजूर केल्यात. केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी ही म्हायती दिली. ह्या रस्त्या खातीर केंद्रान 1060.21 कोटी रुपयां मंजूर केल्ल्यान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केंद्राचे उपकार मानल्यात. हो रस्तो अरुंद आशिल्ल्यान भोमा, कुंडय, खोर्ली हांगा सेगीत येरादारीची कोंयडी जाता. ह्या 7 किलोमिटराच्या पट्ट्याचेर वट्ट 4.275 मीटराचे इलीवेटेड कॉरीडॉर बांदतले. हो पट्टो पुराय जातकच पणजे सावन खंडेपार मेरेनचो फोर लेन रस्तो पुराय जातलो.पणजी-बेळगांव रस्तो फोर लेन जाले उपरांत तेलंगण, आंध्र प्रदेश आनी कर्नाटक सावन गोंयांत येवपी प्रवासी आनी म्हाल येरादारी चड सुरळीत जातली.

अस्नोडा बायपास प्रकल्पाच्या बांदकामाचो नियाळ आयज मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी प्रत्यक्ष पळोवणी करून घेतलो. 130 कोटी रूपया खर्च करून सरकार हो प्रकल्प तयार करता अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या.थळाव्या शेतकारांक आनी गांवांतल्या लोकां कडेन संपर्क सादात, पावसाच्या उदकाची वाटेवीशी तांचो हुस्को सोडोवपाक, रस्त्याची पातळी वाडिल्ल्यान घरांनी आनी शेतांनी उदक वचचें न्हय हे खातीर उपाय चालीक लावपाक, तशेंच शिरगांवच्या देवी श्री लईराई देवळाक भेट दिवपी भक्तांक फावो ती पार्किंग सुवात मेळची हाची खात्री करपाक मुखूलमंत्र्यान भौशीक बांधकाम खात्याक ह्यावेळार आदेश दिले.

यत्ता ६, ७, ८, ९, १० आनी १२ च्या वर्गा खातीर नव्या शिक्षणीक वर्साची आयज अधिकृतपणान सुरवात जाली. ७ ते ३० एप्रील मेरेन सकाळीं ८ ते ११:३० ह्या वेळार वर्ग चलतले. उपरांत मे म्हयन्यांत सुटी आसतली. ३ जूनाक शाळा परत सुरू जातली. आयज राज्यभरच्या शाळांनी सकाळची प्रार्थना करून शिक्षणीक वर्साची सुरवात जाली.

मजगतीं, नवें शिक्षणीक वर्स सुरू करपाचो निर्णय हो पालकां कडेन कसलीच चर्चा करिनासतना घेतिल्ल्याचो दावो करून कांय पालकांनी पणजेच्या शिक्षण

संचालनालया कडेन सरकारच्या धोरणां आड आंदोलन केलें. आयज पसून सुरू जाल्ल्या शिक्षणीक वर्साच्या पयल्याच दिसा शिक्षक आनी पालकां कडल्यान सकारात्मक प्रतिसाद मेळ्ळा अशें हे विशीं उलयताना शिक्षण संचालक, शैलैश झिंगडे हांणी म्हणलें. राज्यांतल्या चडशा शाळांनी विद्यार्थ्यांची १०० टक्के हजेरी नोंद जाल्या.

गोंय शालांत मंडळान मार्चात घेतील्या दहावी परीक्षेचा निकाल 95.35 टक्के लागला. फाटले वर्सापरस अंदु निकाल चड लागला. शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हाणी पत्रकार परिषदेत निकाल जाहीर केलो. मंडळाच्या वेबसायटीचेर सविस्तर निकाल उपलब्ध आसा. चल्यानचो निकाल 94.98 टक्के जाल्यार चलयांचो निकाल 95.71 टक्के लागला.

दिवचल मतदार संघात येवपी दोन वर्षाच्या काळात सगळी वीज जोडणी ही भूयगत स्वरूपात जातली. आनी तेउप्रांत दिवचल मतदार संघातली वीज समस्या कायमची सुटावी जावपाक मजत जातली अशे मत दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटयॆ हाणीं उक्तायलें. दिवचल मतदार संघातल्या नानोडयात ट्रान्सफॉर्मर तशेच लाखेरें हांगवीज खांबाचे उक्तावण केले उप्रांत आमदार शेटये उलयताले. हे वेळार त्यांचे वांगडा दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर तशेच हेर मानेस्त हजर आशिल्ले. दिवचल मतदार संघातल्यो वेगवेगळ्यो समस्या सोडोवपाखातीर आमदार म्हण आपुण कटिबद्ध आसा . दिवचल मतदार संघात वीज खात्या वरवी सुमार 52 कोटी रुपयांची विकासकामा करपाचो हेत पुराय केला. हातूत सत्तावीस कोटीचे कामा थिवी वीज केंद्राकडें संबंधित आसा तर उरलेली सगळी विकासकामा दिवचल मतदार संघात येणाऱ्या दोन वर्षाच्या काळात आपण पुराय करतलो अशें आमदार शेट्टी हाणीं सांगलें. दिवचलचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणीं सांगलें की आमदार चंद्रकांत शेट्ये दिवचल मतदार संघाच्या सर्वांगीण उदरगती खातीर प्रयत्न करीत आसा. त्यांच्या प्रयत्नांत वीज खात्यावरवीं मतदार संघात 52 कोटी रुपयांची कामां जाली.

साखळी नगरपालिका वाठारांत रावपी सगळ्या नागरिकांनी तशेच दुकानदारांनी नगरपालिका कार्यालयात येवन वर्सुकी घरपट्टी तशेंच व्यावसायिक कर बेगोबेग भरपाची गरज आसा अशे आवाहन नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हाणी केला .साखळी नगरपालिका वाठारांत हरवळें साखळी आनि विर्डी तशेच वजरी आसपावतांत. साखळी पालिका वाठारांत रावपी सगळ्यानी आपली वर्सुकी घरपट्टी तशेच व्यापार आनी उद्योग धंदे करपी सगळ्या व्यापाऱ्यांनी आपलो व्यावसायिक कर बेगोबेग साखळी पालिका कार्यालयात भरपाची गरज आसा अशे नगराध्यक्ष परब हाणीं मुखार सांगलें.

मडगांवांत मिठाय तयार करपा खातीर हाडिलो  आनी अयोग्य रितीन सांठोवन दवरिल्लो 540 किल मावो आयज अन्न आनी वखदां प्रशासनान जप्त केलो. ह्या मालाचे एकूण मोल 1.89 लाख रुपया आशिल्ल्याची म्हायती संबंदितांनी दिल्या. मिठाय तयार करपाक राज्या भायल्यान व्हड प्रमाणांत मावो आयिल्ल्याची म्हायती अधिकारी संज्योत कुडाळकार हांणी दिली. ते प्रमाण तपासणी केली तेन्ना दोन आस्थापनांनी सारकी सांठवणूक करुंक नाशिल्ल्याचें आनी एका सुवातेर म्हाल इको गाडयेंत दवरिल्ल्याचें दिसून आयलें. म्हाल सारको सांठोवंक ना जाल्यार तो इबाडटा. आनी तें भलायकेक हानीकारक थारूंक शकता. जप्त केल्लो म्हाल सोनसडो यार्डांत नश्ट करतले अशें स्पश्ट केलें. मावो केन्ना तयार केलो आनी केन्ना पॅक केलो हाची म्हायती पॅकिंगाचेर ना. हाचे भायर दुदाचे पदार्थ पॅकिंग केल्या उपरांत सांठोवपा खातीर गरजेच्यो सुचोवण्यो जारी केल्यात, तांकां पाळो दिवंक नाशिल्ल्यान ही कारवाय केल्या. तांकां कारणां दाखयात नोटीस जारी केल्या अशें रिचर्ड नोरोन्हा हांणी सांगलें.

गोंयांत आतांमेरेन 374 बंधारे बांदल्यात आनी डिसेंबर 2025 मेरेन आनीक शंबर बंधारे बांदतले अशी म्हायती उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी दिली. 2047 मेरेन राज्याची गरज भागोवपा खातीर फुडल्या अडेज वर्सांत राज्याक फावो तें उदक दिवपाचो हेतू आसा आनी हाचेर एक मिशन म्हणून हे बंधारे बांदपाचे काम सुरू आसा अशी म्हायती शिरोडकार हांणी मडगांवां उलयताना दिली. हे खातीर

हेर प्रकल्पां वांगडाच डिसेंबर 2025 मेरेन राज्यांत आनीक 100 बंधारे बांदपाचे आसात, फुडाराक आमकां भरपूर उदक जाय जाल्यार आतांच ताची तजवीज करपाची गरज आसा. राज्याचो उदका सांठो बऱ्या प्रमाणात धारबांदोडा, सत्तरी, केपे आनी फोंडा तालुक्यांनी आसा. ह्या बंधाऱ्याक लागून उदकाची पातळी वाडल्या आशे तांणी सांगलें. हाचे भायर राज्यांतल्या 160 तळ्यांची नितळसाण करून तांचे पुनर्जीवन केला अशें तांणी सांगलें.

दक्षिणेंतल्या साळावली धरणाचेर 100 एमएलडी उदकां प्रकल्प हातांत घेतला, ताचो फायदो मडगांव ते वास्को मेरेनच्या वाठारांक जातलो. ह्या प्रकल्पा वरवीं कुशावती न्हंयचें उदक सरळ दर्यांत वचनासतना ताचो उपेग जातलोे. डिचोलींतल्या साळ गांवाक दर दिसा 250 एमएलडी उदक दिवपाचो प्रकल्प बांदपाचे काम हातांत घेतला. तिळारी कालवो फुटलो जाल्यार उत्तर गोंयच्या उदका पुरवणेक परिणाम जातालो मात हो प्रकल्प बांदल्या उपरांत तो पर्याय म्हूण उपेगी पडटलो अशें तांणी सांगलें.

कायदेशीर पद्धतीन चीरे, आनी रेवेचो धंदो सुरू करपाखातीर यत्ज्ञ चलल्यात,ह्या वेवसायाखातीर लागपी परवाने single window clearance वरवी दीवपाक आदेश दील्यात. तशेंच मेजर आनी मायनर खण वेवसायिवीशी लेगीत आपणे नियाळ घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या. मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला आयज उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांचे जिल्होधीकारी,अंडवोकेट जनरल देवीदिस पांगम,तशेंच खण आनी भूविज्ञान खात्याच्या अधिकाऱ्या वांगडा बसका जाली. ह्यावेळार मुखेलमंत्रियेन खण क्षेत्रा संबंदीत वेगवेगळ्या वीशयांचेर चर्चा केली तशेच ह्या क्षेत्रांतले वेव्हार सुटसुटीत जावपाखातीर खातीर समन्वय वाडोवपाक अधिकाऱ्यांक निर्देश दिले.

मडगावच्या रवीद्र भवनात राम नवमीच्या निमतान काल फामाद गीतकार ग.दी. माडगुळकार हांणी बरयल्ल्या आनी सुधीर फडके हांणी संगीत दिल्ल्या महाकाव्यांतल्या रामायणाच्या गितांचेर आदारिल्ली खाशेली कार्यावळ जाली . पुणेचे नामनेचे शास्त्रीय गायक पंडित विजय कोपरकार हांचे शिश्य आनी तरणाटे प्रतिभावंत गायक अंबर जयंत मिरिंगकार हे मुखेल गायक आशिल्ले. तांकां वादक

म्हूण मालू गावकार, वेदांक जोशी शुभम शहा आनी सिद्धी देशपांडे हांणी साथ दिली. रवींद्र भवन मडगांवचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक आनी उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार हजर आशीलले

फोंडा लायन्स क्लबच्या वतीन लायन्स क्वेस्ट पुस्तकां वितरण कार्यक्रम आज सकाळी गावणेच्या महात्मा गांधी सेन्टेनरी विद्यालय आणि फोंडाच्या डॉक्टर के बी हेडगेवार विद्यालय हांगा जाली. . ह्या वेळार जालल्या कार्यावळीत कार्यावळ प्रकल्प अध्यक्ष लायन्स क्वेस्ट लायन्स क्लब ऑफ फोंडाचे लायन सागर सकोर्डेकार हांच्या फुडारपणा खाला जाली. उपरांत फोंडा हांगाच्या डॉक्टर के बी हेडगेवार विद्यालयत लायन्स क्वेस्टचो 9वो बॅच चालिक लायलो

तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान34.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 21 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 83 % नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 35-26 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसतले आनी काय दुर्गम वाठरांनी दमट उष्ण तापमान आसू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला

नमस्कार